# दिव्यांग विद्यार्थ्यांखातीर शिश्यवृत्ती आनी विद्यावेतन येवजण

ता. 4 सप्टेंबर 2025

गोंयांतल्या विंगड विंगड शाळां, महाविद्यालयां आनी संस्थांनी शिकपी दिव्यांग विद्यार्थ्यांक विद्यावेतन आनी शिश्यवृत्ती दिवपाखातीर दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण संचालनालया वतीन कल्याणकारी येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता.

पयली ते आठवी इयत्तेच्या विद्यार्थीयांक म्हयन्याक 200/- रूपया आनी इयत्ता 9 वी ते 12 वी इयत्तेच्या विद्यार्थीयांक म्हयन्याक 300/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हयन्यांखातीर विद्यावेतन दितात. इयत्ता 9 वी ते 12 वी वा विद्यापीठ अभ्यासक्रमानुसार तत्सम इयत्तेच्या डे-स्कॉलर विद्यार्थ्यांक म्हयन्यांक 500/- रूपया, हॉस्टेलांत रावप्यांक म्हयन्याक 200/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर शिश्यवृत्ती आनी अंध विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 75/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हन्याखातीर रिडर भत्तो दितात.

बी. ए., बी.कॉम., बी. एससी., आदी इयत्तेच्या डे-स्कॉलर विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 650/- रूपया, हॉस्टेलांत रावप्यांक म्हयन्याक 270/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर शिश्यवृत्ती आनी अंध विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 115/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हन्याखातीर रिडर भत्तो दितात.

बी. ई,. बी. आर्क., एमबीबीएस., एलएलबी., बी. एड., वेवसायिक पदविका, अभियांत्रिकी अभ्यासक्रम आनी एमए, एमएससी, एम. कॉम., एलएलएम, एम. एड., च्या डे-स्कॉलर विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 900/- रूपया, हॉस्टेलांत रावप्यांक म्हयन्याक 360/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर शिश्यवृत्ती आनी अंध विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 150/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हन्याखातीर रिडर भत्तो दितात.

वैजकीय मंडळाच्या दाखल्याप्रमाण कमीत कमी 40 टक्के आनी त्या परस चड टक्के दिव्यांग आशिल्ले, पयलीच्या वर्सुकी परिक्षेत कमीत कमी 45 टक्के आनी त्यापरस चड गुण मेळिल्ले, पालकांची वर्सुकी येणावळ 1,50,000/- रूपया परस चड नाशिल्ले आनी समाज कल्याण खात्याचे वळखपत्र आशिल्ले विद्यार्थी ह्या येवजणेखातीर पात्र आसात. मान्यतायप्राप्त शिक्षण मंडळ वा विद्यापिठातल्यान संगीत आनी वेवसायिक अभ्यासक्रमाचे शिक्षण घेवपाकय शिश्यवृत्ती दितात.

ह्या येवजण्यांखाला फकत ऑनलायन अर्ज स्विकारतले आनी ऑफलायन अर्जांखातीरची विनंती विचारात घेवचे ना. 2025-26 वर्सा खातीर विद्यार्थ्यांनी cmscholarship.goa.gov.in ह्या मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर नोंदणी करपाक जाय आनी ती 18 ऑगस्टाच्यान सुरू जाल्ली आसा. नोंदणी आनी अर्ज सुपुर्द करपाची निमाणी तारीख 15 नोव्हेंबर 2025 आसा.

चड म्हायतीखातीर संचालनालयाच्या फोन. न. 0832-2912601 चेर संपर्क करचो वा dir-depwd@goa.gov.in ह्या ई-मेलाचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/725

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.